# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

## सादर करपी



# न्हंयचो राजकुंवर

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- M. Maillot; Lazarus Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Maillot; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



प्रधानमंत्री जोसेफ मेलो! सगळ्या इजिप्तांत ताच्या कुटमाचें दुख्ख वांटून घेतलें. देवान जोसेफ हिब्रूचो वापर करून देशाक दुकळांतल्यान



वाटायलो. तो एक बुद्धीमान आनी मोगाळ फुडारी. आतां तो गेलो.


तीनशें वयर लांब वर्सां गेलीं. जोसेफाचे लोक, हिब्रू, इजिप्तांत एक बळिश्ट वंश जाल्ले. नव्या फारोनाक हिब्रू लोक ताचे आड वचूंक शकतले असो भंय आशिल्लो, देखून ताणें तांकां सगळ्यांक गुलाम केल्ले.
3


फारोन हिब्रू लोकां कडेन खूब वायट वागणूक केल्ली. ताणें तांकां व्हड शारां बांदपाक लायलीं. पूण ताणें कितलेंय कश्ट दीले, तरी हिब्रू गुलामांची संख्या वाडत गेली.
4


एक दीस फारो कडल्यान एक भयानक आदन्या आयली. “सगल्या नव्या जल्मल्ल्या हिब्रू चल्यांक नायल न्हंयांत उडोवंक जाय.” वायट फारोन हिब्रू लोकांचो आंकडो उणो करपाचें थारायलें. तो भुरग्यांचो खून लेगीत करतलो!
5


“आमी कितें करूं येता?” एक कुटुंब अडचणींत पडले. तांणी आपल्या भुरग्याक नाईल न्हंयांत घालपाचें थारायलें. पूण तो एके चकचकीत, उदकांत घट्ट टोपले भितर आसलो.
6


आपलो मोलादीक म्हाल व्हरून ल्हान टोपली-बोट, उदकाचें तणा मदीं उडत गेली. ल्हान भुरग्याक कितें जातलें?
7


पयसुल्ल्यान, भुरग्याची भयण मोलादीक टोपली उदकाचें तणा मधें हळूच वता तें पळयत रावली.
8


अचकीत फारोची धूव आनी तिचे
नोकर न्हावपाक न्हंयचेर आयले.
टोपली लिपोवंक मार्ग नाशिल्लो.
घडये ते पळयनासतना वतले.
9


“ओहो! एक टोपली. थंय
उदकाचें तणात. भितर
कितें आसा काय?.”
फारोच्या चलयेन
आपल्या नोकराक टोपली
हाडपाची आदन्या केली.
ती उगडटना – बाळक
रडपाक लागलें. “हें हिब्रू
भुरगें, राजकन्यान उलो
मारलो.”
10


“बिचारो ल्हान बाळक. तूं इतलो सोभीत.” घडये फारोची धूव
जायत्या व्हडल्या लोक उलयतात तशें बाळका कडेन उलयली
आसतली. तिणें लेगीत सांगिल्लें आसतलें “ऊची-कूटची
कूम्” – इजिप्ताचे भाशेंत.
11


देवान भुरग्याच्या भयणीक खाशेली बुद्धी दिल्ली आसतली.
ती फारोच्या चलये कडेन धांवली. “तुका भुरग्याक पळोवपाक
हिब्रू बायल सोदपाक जाय काय?” “हय! मुखार
वच,” जाप आशिल्ली. ती चली कोणाक
हाडपाक धांवली अशें तुका दिसता?
12


“आवय! बेगीन ये! अरे, बेगीन कर!” घडये चलयेक
समजावंक वेळ नासलो. एकठांय, दोगांयनी परतून
पांयतणां वयल्यान
धांव घेतली.
13


परतून न्हंयचेर, फारोच्या चलयेन भुरग्याक दिलो. “ताका
म्हजे खातीर दुदाक धर. हांव तुका फारीक करतली. ताका
मोयजेस म्हणचें.” मोयजेस उदकाचो
पुत इजिप्त भाशेंत
आसूं येता.
14

आनी अशें मोयजेस आपल्या आवय-बापाय
आनी घरा परतलो. तांणी ताका देवाचो
आनी हिब्रू लोकांचो मोग करुंक शिकयलें.
रोखडेंच तो फारोच्या
चलये वांगडा
राजवाड्यांत
रावतलो. जें
देवान ताचो जीव
वाटायलो, ताणें
बाळक मोयजेसाक
व्हडलो फुडार
नियोजीत केल्लो.





न्हंयचो राजकुंवर

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

निसर्ग २

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130



# शेवट

9 60



हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16